**तरणाट्यांनी स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेत सक्रीय वाटो घेवपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो**

ता. 5 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज नेहरू युवा कें‌द्रान पाटो पणजी हांगा कला आनी संस्कृती संचालनालयात आयोजीत राज्य युवा संसद कार्यक्रमाचे उक्तावण केले.

नवी दिल्लीत जावपी राष्ट्रीय युवा संसद उत्सव 2021 त गोंयचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर नेहरू युवा कें‌द्रान गोंयांतल्यान निवड केल्ल्या चार स्पर्धकांनी ह्या कार्यक्रमात आपले सादरीकरण दाखयले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान राज्याच्या युवा धोरणाची म्हायती दितना युवा सप्तक कार्यक्रमानिमतान 12 जानेवारी सावन विंगड विंगड कार्यक्रम आयोजीत करपात येतले म्हणपाचे सांगले.

मुख्यमंत्र्यान स्वामी विवेकानंदाच्या अवतरणाचो उल्लेख करतना म्हणले, आमच्या जीणेत प्रत्येक गैरसमजूतीक कारण आसता. आमी दुसऱ्याकडेन आमच्या नदरेतल्यान पळयतात पुण खरे म्हणल्यार ते तशें नासतात. युवकांनी स्वामी विवेकानंद हांच्या विचारांतल्यान प्रेरणा घेवन समाजाचे नेतृत्व करपाक जाय. युवकांनी आपले उद्दीश्ट साध्य जाय मेरेन प्रयत्न करीत रावपाक जाय, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यान तरणाट्यांक स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेत सक्रीय वाटो घेवन आपले योगदान दिवपाचोय उलो मारलो.

सुरवातीक नेहरू युवा कें‌द्राचे जिल्हा युवा समन्वयक श्री. कालीदास घाटवळ हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. कला आनी संस्कृती संचालनालयाचे संचालक श्री. सगुण वेळीप, श्री. कांता गावडे आनी परिक्षक ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/15

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji